**राज्यपालाकडल्यान रामनमीची परबीं**

ता. 9 एप्रिल 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी रामनम उत्सवाच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक काळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, रामनम हो म्हत्वाचो दीस ज्या दिसा श्रीरामाचो जल्म जालो. हो दीस देशभरांत व्हडा धर्मिक भावनेन आनी उत्साहान मनयतात. आदर्श व्यक्तिमत्वाचे सगळें सद्गूण श्रीरामाच्या आंगात आशिल्ले. ते एक आदर्श पुत्र, आदर्श बंधू, आदर्श पती, आदर्श इश्ट आनी आदर्श राजा आशिल्ले. तांचे सदगूण आनी निपूणतायेक लागून तांकां "पुरूषोत्तम" म्हूण वळखताले. अयोध्येतल्या तांच्या राज्यकारभाराचे रामराज्य म्हुण वर्णन केला, जो सत्याच्या मार्गान चलतालो.

ह्या उत्सवाच्या प्रसंगार आमी सत्य, नैतिकता, प्रामाणिकता, नम्रताय आनी उजू नितीतत्वांकडेन स्वता समर्पित जावया. ह्या वर्सा रामनमीचो सुवाळो आमी सुरक्षा शिश्टाचारांक पाळो दिवन मनोवया. ह्या वर्साचो रामनमीचो उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपालान संदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/239

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji